# विठ्ठलापूर-सांखळे 5 नोव्हेंबराक त्रिपुरारी पुनवेचो उत्सव

ता. 3 नोव्हेंबर 2025

कला आनी संस्कृती संचालनालय, पर्यटन खाते, पर्यटन विकास म्हामंडळ, म्हायती आनी प्रसिध्दी खाते, दिपावली उत्सव समिती आनी श्री विठ्ठल देवस्थान समिती हांच्या सहकार्यान 5 नोव्हेंबर 2025 दिसा विठ्ठलापूर सांखळी हांगा त्रिपुरारी पुनव उत्सव मनोवपात येतलो.

त्रिपुरारी पुनवेच्या उत्सवानिमतान विंगड विंगड कार्यक्रमांचे आयोजन करपात येतले. सांजेच्या 7.00 वरांचेर भगवान श्रीकृष्ण मिरवणूक, उपरांत वाळवंटी न्हंयच्या पात्रात दीपदानाचो कार्यक्रम जातलो. 7.30 वरांचेर श्री पांडुरंग देवस्थानच्या प्रांगणात सांस्कृतिक कार्यक्रम, रातच्या 10.30 वरांचेर श्री विठ्ठल-रखुमाईची पालखी मिरवणूक आनी उपरांत पारंपरीक सारंग दिवे मळबात सोडपाचो कार्यक्रम जातलो. पारंपरीक नौकाविहार सर्त रातच्या 10.30 ते 12.00 वरां मेरेन जातली. वाळवंटी न्हंयच्या पात्रात जावपी नौकाविहार सर्त ही उत्सवाचे खाशेले आकर्शण आसा आनी गोंयासयत शेजारच्या राज्यांतल्यान हजारांनी भाविक ही सर्त पळोवपाक येतात. नौकाविहार सर्तीत पर्यावरणपूरक नौकांचो सहभाग आसता

म्हायती आनी प्रसिध्दी खात्यावतीन श्री विठ्ठल-रखुमाई मंदीराच्या प्राकारात 'गोंयचें रस्ते आनी म्हामार्ग' ह्या विशयाचेर फोटो प्रदर्शन आयोजीत करपात येतले.

म्हा /सप/ / विगां/ 2025/846

--

---

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,

Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.